कर्नाटक सर्कार

येया, कोंकणी शिकुंया – २

9 वे वर्गाक

कोंकणी तीसरी भास पाठ पुस्तक

भाग – 1

9th Std. Konkani Third Language
Text Book

Karnataka Textbook Society (R.)
6th Cross, Malleshwaram
Bangalore - 560 003.

Preface

The Textbook Society, Karnataka has been engaged in producing new textbooks according to the new syllabi which in turn are designed on NCF – 2005 since June 2010. Textbooks are prepared in 12 languages; seven of them serve as the media of instruction. From standard 1 to 4 there is the EVS, mathematics and 5th to 10th there are three core subjects namely mathematics, science and social science.

NCF – 2005 has a number of special features and they are:

- connecting knowledge to life activities.
- learning to shift from rote methods.
- enriching the curriculum beyond textbooks.
- learning experiences for the construction of knowledge.
- making examinations flexible and integrating them with classroom experiences.
- caring concerns within the democratic policy of the country.
- making education relevant to the present and future needs.
- softening the subject boundaries- integrated knowledge and the joy of learning.
- the child is the constructor of knowledge.

The new books are produced based on three fundamental approaches namely.

Constructive approach, Spiral Approach and Integrated approach.

The learner is encouraged to think, engage in activities, master skills and competencies. The materials presented in these books are integrated with values. The new books are not examination oriented in their nature. On the other hand they help the learner in the all round development of his/her personality, thus help him/her become a healthy member of a healthy society and a productive citizen of this great country, India.

The most important objectives of teaching language are listening, speaking, reading, writing and reference work. These skills have been given a lot of importance in all the language textbooks. Along with the inculcation of these skills, fundamental grammar, opportunities for learners to appreciate beauty and imbibe universal life values have been integrated in language textbooks. When learners master these competencies, they would stop studying textbooks for the sake of passing examinations. In order to help learners master these competencies, a number of paired and group activities, assignments and project work have been included in the textbooks. It is expected that these activities would help

learner master communicative skills. Ultimately, it is expected that students master the art of leaming to learn and make use of these competencies in real life.

The Textbook Society expresses grateful thanks to the chairpersons, writers, scrutinisers, artists, staff of DIETs and CTEs and the members of the Editorial Board and printers in helping the Text Book Society in producing these textbooks. A few works of some writers and poets have been included in these textbooks. The textbook society is extremely grateful to them for giving their consent for the inclusion of these pieces in the textbooks.

Nagendra Kumar
Managing Director
Karnataka Textbook Society®
Bangalore, Karnataka

Prof G S mudambadithaya
Coordinator
Curriculum Revision and Textbook Preparation
Karnataka Textbook Society®
Bangalore, Karnataka

ಪರಿಷ್ಕರಣೆ ಕುರಿತು

ಒಂದರಿಂದ ಹತ್ತನೇ ತರಗತಿಯ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳ ಬಗ್ಗೆ ಪ್ರಕಟಗೊಂಡ ಸಾರ್ವಜನಿಕ ಅಭಿಪ್ರಾಯಗಳನ್ನು ಗಮನಿಸಿ ಮಾನ್ಯ ಮುಖ್ಯಮಂತ್ರಿಯವರೂ ಅರ್ಥಸಚಿವರೂ ಆಗಿರುವ ಶ್ರೀ ಸಿದ್ದರಾಮಯ್ಯನವರು ತಮ್ಮ 2014–15 ರ ಬಜೆಟ್‌ನಲ್ಲಿ ತಜ್ಞರ ಸಮಿತಿಯನ್ನು ರಚಿಸುವ ಘೋಷಣೆ ಮಾಡಿದರು. ತಜ್ಞರು ಅನುಸರಿಸಬೇಕಾದ ಮೂಲ ಆಶಯವನ್ನು ಹೀಗೆ ಹೇಳಿದರು : "ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳನ್ನು ಸಾಮಾಜಿಕ ಸಾಮರಸ್ಯ, ನೈತಿಕಮೌಲ್ಯಗಳು, ವ್ಯಕ್ತಿತ್ವವಿಕಸನ, ವೈಜ್ಞಾನಿಕ ಮತ್ತು ವೈಚಾರಿಕ ಮನೋಭಾವ, ಜಾತ್ಯತೀತತೆ ಮತ್ತು ರಾಷ್ಟ್ರೀಯ ಬದ್ಧತೆಗಳಿಗೆ ಅನುವಾಗುವಂತೆ ತಜ್ಞರ ಸಮಿತಿಯನ್ನು ಪುನರ್ ರಚಿಸಲಾಗುವುದು" – ಇದು ಬಜೆಟ್ ಭಾಷಣದಲ್ಲಿ ಸಾದರಪಡಿಸಿದ ಆಶಯ.

ಆನಂತರ ಶಿಕ್ಷಣ ಇಲಾಖೆಯು ಒಂದರಿಂದ ಹತ್ತನೇ ತರಗತಿಯವರೆಗಿನ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳ ಪರಿಷ್ಕರಣೆಗಾಗಿ 27 ಸಮಿತಿಗಳನ್ನು ರಚಿಸಿ ದಿನಾಂಕ: 24.11.2014 ರಂದು ಆದೇಶ ಹೊರಡಿಸಿತು. ಈ ಸಮಿತಿಗಳು ವಿಷಯವಾರು ಮತ್ತು ತರಗತಿವಾರು ಮಾನದಂಡಕ್ಕನುಗುಣವಾಗಿ ರಚಿತವಾದವು. ವಿವಿಧ ಪಠ್ಯವಿಷಯಗಳಿಗೆ ಸಂಬಂಧಿಸಿದ ತಜ್ಞರು, ಅಧ್ಯಾಪಕರು ಈ ಸಮಿತಿಗಳಲ್ಲಿದ್ದಾರೆ. ಈಗಾಗಲೇ ಲಿಖಿತವಾಗಿ ಬಂದಿರುವ ಅನೇಕ ಆಕ್ಷೇಪಗಳು ಮತ್ತು ವಿಶ್ಲೇಷಣೆಗಳನ್ನು ಪರಿಶೀಲಿಸಿ, ತಪ್ಪು ಒಪ್ಪುಗಳ ಬಗ್ಗೆ ನಿರ್ಣಯಿಸಿ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳನ್ನು ಪರಿಷ್ಕರಿಸುವ ಹೊಣೆಹೊತ್ತ ಈ ಸಮಿತಿಗಳಿಗೆ 'ಅಗತ್ಯವಿದ್ದಲ್ಲಿ ಪಠ್ಯವಸ್ತುವನ್ನು ಪರಿಷ್ಕರಿಸಿ ನಂತರ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳನ್ನು ಪರಿಷ್ಕರಿಸುವ' ಸ್ವಾತಂತ್ರ್ಯವನ್ನು 24.11.2014ರ ಆದೇಶದಲ್ಲೇ ನೀಡಲಾಗಿತ್ತು. ಆನಂತರ 19.09.2015 ರಂದು ಹೊಸ ಆದೇಶ ಹೊರಡಿಸಿ 'ಅಗತ್ಯವಿದ್ದಲ್ಲಿ ಪುನರ್ ರಚಿಸುವ' ಸ್ವಾತಂತ್ರ್ಯವನ್ನು ನೀಡಲಾಯಿತು. ಹೀಗೆ ಸಮಗ್ರ ಪರಿಷ್ಕರಣೆಗೊಂಡ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳನ್ನು 2016–17 ರ ಬದಲು 2017–18ನೇ ಶೈಕ್ಷಣಿಕ ವರ್ಷದಲ್ಲಿ ಜಾರಿಗೊಳಿಸಲಾಗುವುದೆಂದು ಇದೇ ಆದೇಶದಲ್ಲಿ ತಿಳಿಸಲಾಯಿತು.

ಅನೇಕ ವ್ಯಕ್ತಿಗಳೂ ಸಂಘಟನೆಗಳೂ ಸ್ವಯಂಪ್ರೇರಿತರಾಗಿ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳ ಮಾಹಿತಿದೋಷ, ಆಶಯದೋಷಗಳನ್ನು ಪಟ್ಟಿಮಾಡಿ ಶಿಕ್ಷಣ ಸಚಿವರಿಗೆ, ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಸಂಘಕ್ಕೆ ಕಳುಹಿಸಿದ್ದರು. ಅವುಗಳ ಪರಿಶೀಲನೆಮಾಡಿದ್ದಲ್ಲದೆ, ಸಮಿತಿಗಳಾಚೆಗೆ ಅನೇಕ ಸಂವಾದಗಳನ್ನು ಏರ್ಪಡಿಸಿ ವಿಚಾರ ವಿನಿಮಯ ಮಾಡಿಕೊಂಡಿದ್ದೇವೆ. ಪ್ರಾಥಮಿಕ ಮತ್ತು ಪ್ರೌಢಶಾಲಾ ಅಧ್ಯಾಪಕರ ಸಂಘಗಳ ಜೊತೆ ಚರ್ಚಿಸಿದ್ದಲ್ಲದೆ ಪ್ರಶ್ನಾವಳಿ ಸಿದ್ಧಪಡಿಸಿ ಅಧ್ಯಾಪಕರಿಗೆ ಕಳಿಸಿ ಅಭಿಪ್ರಾಯಗಳನ್ನು ಸಂಗ್ರಹಿಸಲಾಗಿದೆ. ಅಧ್ಯಾಪಕರು, ವಿಷಯಪರಿವೀಕ್ಷಕರು ಮತ್ತು ಡಯಟ್ ಪ್ರಾಂಶುಪಾಲರ ಪ್ರತ್ಯೇಕ ಸಭೆಗಳನ್ನು ನಡೆಸಿ ವಿಶ್ಲೇಷಣಾತ್ಮಕ ಅಭಿಮತಗಳನ್ನು ಪಡೆಯಲಾಗಿದೆ. ವಿಜ್ಞಾನ, ಸಮಾಜವಿಜ್ಞಾನ, ಗಣಿತ, ಭಾಷೆ ಸಾಹಿತ್ಯಗಳಿಗೆ ಸಂಬಂಧಿಸಿದ ತಜ್ಞರಿಗೆ ಮೊದಲೇ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳನ್ನು ಕಳುಹಿಸಿ ಆನಂತರ ಸಭೆ ನಡೆಸಿ ಚರ್ಚಿಸಲಾಗಿದೆ. ಮಹಿಳಾ ಸಂಘಟನೆ ಹಾಗೂ ವಿಜ್ಞಾನ ಸಂಬಂಧಿ ಸಂಸ್ಥೆಗಳನ್ನು ಆಹ್ವಾನಿಸಿ ಚಿಂತನೆ ನಡೆಸಲಾಗಿದೆ. ಹೀಗೆ ಎಲ್ಲಾ ಮೂಲಗಳಿಂದ ಪಡೆದ ಅರಿವಿನ ಆಧಾರದ ಮೇಲೆ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳನ್ನು ಅಗತ್ಯವಿದ್ದಕಡೆ ಪರಿಷ್ಕರಿಸಲಾಗಿದೆ.

ಬಹುಮುಖ್ಯವಾದ ಇನ್ನೊಂದು ಸಂಗತಿಯನ್ನು ಇಲ್ಲಿ ಹೇಳಬೇಕು. ಕೇಂದ್ರೀಯ ಶಾಲಾ (N.C.E.R.T) ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳ ಜೊತೆ ರಾಜ್ಯದ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳನ್ನು ತೌಲನಿಕವಾಗಿ ಅಧ್ಯಯನ ಮಾಡಿ

ಸಲಹೆಗಳನ್ನು ನೀಡಲು ವಿಜ್ಞಾನ, ಗಣಿತ ಮತ್ತು ಸಮಾಜವಿಜ್ಞಾನಕ್ಕೆ ಸಂಬಂಧಿಸಿದಂತೆ ತಜ್ಞರ ಮೂರು ಸಮಿತಿಗಳನ್ನು ರಚಿಸಲಾಯಿತು. ಈ ಸಮಿತಿಗಳು ನೀಡಿದ ತೌಲನಿಕ ವಿಶ್ಲೇಷಣೆ ಮತ್ತು ಸಲಹೆಗಳನ್ನು ಆಧರಿಸಿ ರಾಜ್ಯ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳ ಗುಣಮಟ್ಟವನ್ನು ಹೆಚ್ಚಿಸಲಾಗಿದೆ. ಕೇಂದ್ರೀಯ ಶಾಲಾ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳಿಗಿಂತ ನಮ್ಮ ರಾಜ್ಯದ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳ ಗುಣಮಟ್ಟ ಕಡಿಮೆಯಾಗದಂತೆ ಕಾಯ್ದುಕೊಳ್ಳಲಾಗಿದೆ. ಜೊತೆಗೆ ಆಂಧ್ರ, ತಮಿಳುನಾಡು, ಮಹಾರಾಷ್ಟ್ರಗಳ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳ ಜೊತೆ ನಮ್ಮ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳನ್ನು ಪರಿಶೀಲಿಸಲಾಗಿದೆ.

ಇನ್ನೊಂದು ಸ್ಪಷ್ಟನೆಯನ್ನು ನೀಡಲು ಬಯಸುತ್ತೇನೆ. ನಮ್ಮ ಸಮಿತಿಗಳು ಮಾಡಿರುವುದು ಪರಿಷ್ಕರಣೆಯೇ ಹೊರತು ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳ ಸಮಗ್ರ ರಚನೆಯಲ್ಲ. ಆದ್ದರಿಂದ ಈಗಾಗಲೇ ರಚಿತವಾಗಿರುವ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳ ಸ್ವರೂಪಕ್ಕೆ ಎಲ್ಲಿಯೂ ಧಕ್ಕೆಯುಂಟುಮಾಡಿಲ್ಲ. ಲಿಂಗತ್ವ ಸಮಾನತೆ, ಪ್ರಾದೇಶಿಕ ಪ್ರಾತಿನಿಧ್ಯ, ರಾಷ್ಟ್ರೀಯ ಸಮಗ್ರತೆ, ಸಮಾನತೆ, ಸಾಮಾಜಿಕ ಸಾಮರಸ್ಯಗಳ ಹಿನ್ನೆಲೆಯಲ್ಲಿ ಕೆಲವು ಪರಿಷ್ಕರಣೆಗಳು ನಡೆದಿವೆ. ಹೀಗೆ ಪರಿಷ್ಕರಿಸುವಾಗ ರಾಷ್ಟ್ರೀಯ ಪಠ್ಯಕ್ರಮ ಚೌಕಟ್ಟು ಮತ್ತು ರಾಜ್ಯ ಪಠ್ಯಕ್ರಮ ಚೌಕಟ್ಟುಗಳನ್ನು ಮೀರಿಲ್ಲವೆಂದು ತಿಳಿಸಬಯಸುತ್ತೇನೆ: ಜೊತೆಗೆ ನಮ್ಮ ಸಂವಿಧಾನದ ಆಶಯಗಳನ್ನು ಅನುಸರಿಸಲಾಗಿದೆ. ಸಮಿತಿಗಳು ಮಾಡಿದ ಪರಿಷ್ಕರಣೆಯನ್ನು ಮತ್ತೊಮ್ಮೆ ಪರಿಶೀಲಿಸಲು ವಿಷಯವಾರು ಉನ್ನತ ಪರಿಶೀಲನ ಸಮಿತಿಗಳನ್ನು ರಚಿಸಿ ಅಭಿಪ್ರಾಯಪಡೆದು ಅಳವಡಿಸಲಾಗಿದೆ.

ಹೀಗೆ ಕ್ರಮಬದ್ಧವಾಗಿ ನಡೆದ ಕೆಲಸಕ್ಕೆ ತಮ್ಮನ್ನು ತಾವು ಸಂಪೂರ್ಣ ತೊಡಗಿಸಿಕೊಂಡ 27 ಸಮಿತಿಗಳ ಅಧ್ಯಕ್ಷರು ಮತ್ತು ಸದಸ್ಯರನ್ನು ಹಾಗೂ ಉನ್ನತ ಪರಿಶೀಲನಾ ಸಮಿತಿಯ ಸಮಸ್ತರನ್ನು ಕೃತಜ್ಞತೆಯಿಂದ ನೆನೆಯುತ್ತೇವೆ. ಅಂತೆಯೇ ಸಮಿತಿಗಳ ಕೆಲಸ ಸುಗಮವಾಗಿ ನಡೆಯುವಂತೆ ವ್ಯವಸ್ಥೆಮಾಡಲು ಕಾರ್ಯಕ್ರಮ ಅಧಿಕಾರಿಗಳಾಗಿ ನಿಷ್ಠೆಯಿಂದ ದುಡಿದ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಸಂಘದ ಎಲ್ಲಾ ಅಧಿಕಾರಿಗಳನ್ನೂ ನೆನೆಯುತ್ತೇವೆ. ಸಹಕರಿಸಿದ ಸಿಬ್ಬಂದಿಗೂ ನಮ್ಮ ವಂದನೆಗಳು. ಅಭಿಪ್ರಾಯ ನೀಡಿ ಸಹಕರಿಸಿದ ಸರ್ವ ಸಂಘಟನೆಗಳು ಮತ್ತು ತಜ್ಞರಿಗೆ ಧನ್ಯವಾದಗಳು.

ಎಂ. ಪಿ. ಮಾದೇಗೌಡ
ವ್ಯವಸ್ಥಾಪಕ ನಿರ್ದೇಶಕರು
ಕರ್ನಾಟಕ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಸಂಘ (ರಿ.)
ಬೆಂಗಳೂರು.

(ಪ್ರೊ. ಬರಗೂರು ರಾಮಚಂದ್ರಪ್ಪ)
ಸರ್ವಾಧ್ಯಕ್ಷರು
ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಪರಿಷ್ಕರಣ ಸಮಿತಿ
ಕರ್ನಾಟಕ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಸಂಘ (ರಿ.)
ಬೆಂಗಳೂರು.

प्रस्तावन

नव्या वर्गांक तिसरी भास जावून शिकोवचे खातीर तयार केल्या ह्या पाठ पुस्तकांत 10 गध्य 8 पध्य अशें 18 पाठ आसात. कोंकणी भाशेच्या चडश्ये बोलीयांची परिचय करचे प्रयत्न हांगा केलां. हर एक पाठा उप्रांत पाठाचो आशय, झळक आनी थरावळ अभ्यास दिल्यात. अध्ययन कौशल्य जावुनास्चे आयकप, उलोप, वाचप आनी बरप आपणांच्या खातीर हें अभ्यास वापरचे हर एक पाठांत राष्ट्रीय पाठ क्रम बांदावळिंतले मूल मौल्य आनी मूल उद्देश आसात. पाठांत येवचे सर्व विषय भाषेच्या अध्ययनाक आनी कौशल्य वृध्दी खातीर वापरचे भाषेंत संहनाच्या शिकपाक चडशें महत्व दिवून शिक्षकांनी भुग्र्यांचे भाशा सामर्थ वृध्दी करचे प्रयत्न गरज असले थंय चडशें माहित आनी वाचप दिवचे हे पाठ पुस्तक शिक्षकांच्या आनी विध्यार्थ्याच्या बरें क्रियाशीलतेक एक साधन जावचे तयार केलां. ह्या प्रयत्नांत यशस्वी जोडूंक शिक्षकाक आनी विध्यार्थ्यांक आमी बरें मागतात.

– प्रो क्षेवियर डिसोजा

पठयपुस्तक रचना समिती

अध्यक्ष :
प्रो. क्षेवियर डिसोजा, प्रांशुपाल पहिलो दर्जे कॉलेज विटला

सांघे :
श्री ऐलोशियस डिसोजा, मुख्याह्यापक रोजोरियो प्रौढशाळा, मंगलूर
श्रीमती असुंप्ता डिसोजा, संत जोसेफ वर्कस् हि. प्रा. शाळा वामंजूर मंगळूर
श्री फ्रान्सीस डिकुन्हा, पेजावर हायस्कूल कळावर बजपे मंगळूर

लिप्यतंक : डॉ. जयवंत नायक, श्री निकेतन, प्रतापनगर मंगळूर
परिशीलकर : वं.फा. वलेरियन फर्नाडिस, बिश्प्स हाव्स, मंगळूरू
चित्रकार : श्री शैलम् लाली, सरकारी प्रौढशाळा, बजगोळी कार्कळ

समन्वय समिती :
श्री रोय कॉस्टॉलिनो, अध्यक्ष, कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी मंगळूर
डॉ. बि देवदास पै. रिजिस्ट्रार, कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी, मंगळूर
श्री लारेन्स डीसोजा, अध्यक्ष, कोंकणी प्रचार संचालन (रि) मंगळूर
डॉ. मोहन पै. कार्यदार्शि, कोंकणी अल्पसंख्यात विध्या संस्थाच्या संघ मंगळूर

मुख्य संयोजक :
प्रो.जी. एस मुडंबडित्ताय, पठय पुस्तक परिश्कारण आनी पठयपुस्तक रचना, कर्नाटक पठयपुस्तक संघ बेंगळूर

मुख्य सलहा :
श्री नागेंद्र कुमार, व्यवस्थापक निर्देशक कर्नाटक पठयपुस्तक संघ, बेंगळूर
श्रीमती सी. नागमणि, उपनिर्देशक कर्नाटक पद्यपुस्तक संघ, बेंगळूर

कार्यक्रम संयोजक :
श्रीमती एं. भाग्यवतम्मा, सहायक निर्देर्शिका, कर्नाटक पद्यपुस्तक संघ, बेंगळूर

Foreword

In the pursuit of fostering a healthier and more balanced educational journey, we present this initiative aimed at reducing the weight of school bags. Education is the cornerstone of progress and it is our responsibility to ensure that the pursuit of knowledge is accompanied by the wellbeing of students.

As a first step, to reduce the burden of heavy bags, the School Education Department, Government of Karnataka has decided to print semester-wise textbooks in 2 parts i.e., Summative Assessment 1 and 2. This intervention will help significantly in reducing the weight of school bags.

This Endeavour signifies a paradigm shift, acknowledging the strain posed by bulky bags on students.

Manjushree. N. IAS
Managing Director
Karnataka Textbook Society (R.)

ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಪರಿಷ್ಕರಣ ಸಮಿತಿಗಳ ವಿವರ

ಸರ್ವಾಧ್ಯಕ್ಷರು

ಪ್ರೊ. ಬರಗೂರು ರಾಮಚಂದ್ರಪ್ಪ,
ರಾಜ್ಯ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಪರಿಷ್ಕರಣ ಸಮಿತಿ,
ಕರ್ನಾಟಕ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಸಂಘ(ರಿ), ಬೆಂಗಳೂರು.

ಪರಿಷ್ಕರಣ ಸಮಿತಿ

ಅಧ್ಯಕ್ಷರು

ಡಾ। ಕಸ್ತೂರಿ ಮೋಹನ್ ಪೈ,
ವಿಷಯತಜ್ಞರು, ಸಿಟಿ ಸೆಂಟರ್, ನವಭಾರತ ವೃತ್ತ,
ಕೊಡಿಯಾಲ್‌ಬೈಲ್, ಮಂಗಳೂರು.

ಸದಸ್ಯರು

ಶ್ರೀ. **ಅಲ್ವಿನ್ ಸಲ್ಡಾನ,** ಸ.ಶಿ, ಕೂಳೂರು ಪ್ರೌಢಶಾಲೆ, ಕೂಳೂರು, ಮಂಗಳೂರು
ಶ್ರೀಮತಿ ಐರಿನ್ ಸಿಕ್ವೆರಾ, ಸಂತಾ ಜೊಸೆಫರ ಹಿರಿಯ ಪ್ರಾಥಮಿಕ ಶಾಲೆ, ನಂತೂರು, ಪದವು, ಕೆಲ್ಲರಿ. ಮಂಗಳೂರು.
ಶ್ರೀ. **ತೆರೇಸಾ ಪುಟ್ರಾದೊ,** ಸಂತ ಫ್ರಾನ್ಸಿಸ್ ಕ್ಷೇವಿಯರ್ ಪ್ರೌಢಶಾಲೆ, ಉದ್ಯಾವರ, ಉಡುಪಿ ಜಿಲ್ಲೆ.

ಸಲಹೆ ಮತ್ತು ಮಾರ್ಗದರ್ಶನ :

ಶ್ರೀ ಎಂ. ಪಿ. ಮಾದೇಗೌಡ, ವ್ಯವಸ್ಥಾಪಕ ನಿರ್ದೇಶಕರು, ಕರ್ನಾಟಕ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಸಂಘ(ರಿ.), ಬೆಂಗಳೂರು.
ಶ್ರೀಮತಿ ಎಂ. ಡಿ. ಉಷಾ, ಉಪನಿರ್ದೇಶಕರು, ಕರ್ನಾಟಕ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಸಂಘ(ರಿ.), ಬೆಂಗಳೂರು.

ಕಾರ್ಯಕ್ರಮ ಸಂಯೋಜಕರು :

ಶ್ರೀ ಎಲ್. ಶಂಕರೇಗೌಡ, ಸಹಾಯಕ ನಿರ್ದೇಶಕರು, ಕರ್ನಾಟಕ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಸಂಘ(ರಿ.), ಬೆಂಗಳೂರು.

मांडावळ




क्र.सं	विशय	पान संको
1.	पद्य – सोंरगो हांव	01
2.	गद्य – कोंकणी लोकांच्यो धंदो	05
3.	पद्य – निती सुभाषीत	11
4.	गद्य – कोंकणीक ग्रेस्त केल्ले म्हालगडे	16
5.	गद्य – मनश्या जिणिये भोंवारी रूख झाडां	23
6.	पद्य – भागी	30
7.	गद्य – आमच्या भोंवारिचीं धार्मीक थळां	35
8.	गद्य – जानपद काणियो	42
9.	पद्य – मोगा जात	50

पाठ – 1
पद्य

सोंरगो हांव

C2G2B7



सोंरगो हांव
सूत तुज्या हातांत
तुटूंक सोडनाका

दिवो हांव
तेल तुज्या हातांत
पालंवूक सोडनाका

सोळी हांव
रंग तुज्या हातांत
सोभाय काडनाका

भुरगो हांव
हात तुज्या हातांत
पडूंक सोडनाका

दोण हांव
दरयो तुज्या हातांत
बडूंक सोडनाका

सुकणे हांव
उबता तुज्या मोळबांत
धरणीक शेवटीनाका

–स्टीवन क्वाड्रस पेर्मुदे

- **कविची वळक:**
  वृतीन कोलेजींत चरित्रेचो प्राध्यापक कोंकणी कवी लेखक भाषांतरकर्त आनी पाठ पुस्तक रचनाकार
- **कवितेची झळक:**
  हे कवितेंत कवी आपण्यांक वेवेगळे शक्तीचे संबंध दवरन संबध देवा लागी आधार मागता.

अभ्यास

I. शब्दांचो अर्थ

सोंरगो = गाळिपट (कानडी भाशेंत) सोळी = रंगावळ

शेवट्टीनाका = धरणीक मारचे तुटूंक = कुडके जांवक

II. विरोध अर्थ बरय

पालूंक x _____ बुडय x _____

III. अर्था प्रकार मेळवन बरया

सोंरगो	तेलविने पालवता	
दिवो	मोळबार उबता	
सोळी	दरयांत बुडना	
सुकणे	सुतार उबता	
दोण	रंगाळ सोभाय	

IV. एका वाक्यान जाप बरय

1. सोंरगो हांव कवितेचो कवी कोण?

2. सुकणे खयंसर उबतां? दिवो पेतूंक कितें जाय?

3. सोळीं म्हळ्यार कितें?

4. दिव्याक आमी कितें घालतात?

5. कवी हें कवितेंत कोणा लागी मागता?

V. दोन व तीन स्वंत वाक्यानी जाप बरया?

1. कवी आपण्यांक खयंच्या वस्तूंक सरी करता?

2. कवी हे कविते द्वारी कितें आशेता?

3. हे कवितेचो सारांश बरय?

4. हे कवितेंत कवी आपण्यांक खंच्या संगतीक सरी करता?

VI. ही कविता तोंडपाठ कर्न सांग आनी बरय?

VII. पद पूर्ते कर?

1) दोण हांव .....

.....

.....

..... धरणिक शेवटीनाका

2) दिवो हांव.....

.....

.....

..... शोभाय काडनाका.

VIII. समान अर्थ दिवचे शब्द बरय ।

1. दिवो –
2. दरयो –
3. मोळब –
4. धरण –

5. सोंरगो –

IX. दिल्ये देकी प्रकार वाक्या पूर्ण करा:

देखीक वाक्य – सोंरगो तुटूंक सोडल्यार तुटता

1. दिवो पालवूंक सोडल्यार?
2. भुरग्यांक पडूंक सोडल्यार?
3. दोण बुडूंक सोडल्यार
4. सुकणे उबूंक सोडल्यार

X. देकी प्रकार बरया:

1. सोंरगो – सोंरगोन – सोंरगोक
2. दिवो – –
3. सोळी? – –
4. सूत – –
5. रंग – –

XI. ह्या शब्दांक कोंकणीच्या दुसरे बोलीयांनी आसचे हेर शब्द बरय:

सोंरगो, दिवो, भुर्गी, मोळब, दरयो


XII. नियोजीत वावर

प्रस्तूत पत्रांनी कोंकणींतल्या थोडया युव कवी विशीं माहेत जमो कर.

पाठ – 2
गद्य

कोंकणी लोकांचो धंदो

F1L9H6



(मनीस एक सघंजीवी । नागरिक समाजेंत तो आपला कुटुंबा बराबर जियता, आपला जिविताक गरज पडच्यो तो एकलोच जमोंक सकना माणजे, खाण, वस्तूर, आयदानां तयार करचाक कसबा म्हणतात. कसबदार समाजाचें कसबदारांचे जमायक आमी समुदाय म्हणतात हांगा कोंकणी समाजाचें वेवेगळ कसबदाराचे झळक दिल्या.)


भारताचे पश्चिम तटवरतीचे महाराष्ट्र, रत्नगिरी, गोंय कार्नाटक आनी केरळ मेरेन शिपंडल्या कोकंण करावळाचें कोकणी लोक वेवेगळे धंदो करतात . हे कसंबाक लागून तांका आडनांव आसलीं.

रानांत वसती करतलें 'सिद्धी आनी कुडमीं लोक कृशी संगाता मोनजाती पोसतालें; रानवट मोनजातिंची शिकारी करतालो, मोंव, तिकेपालो, बिरंडा सोल्ला ओकदाक झाडां–पाळा–पानां, विकरी करताली. कांट, बाटी, मांदरयो कोरुन विकताले. बांय खोंडचें, लाकूड फोडचे असले उपकसब करताशिले.

कोंकणी समाजाचें वेवेगळे लोक आपल्या बागी भाटांनी कुळागार, पान–कसर; मिरी – मिरसांग फळ – जोडतालो. उदका सवलत आसल्यार तीन बेळे नातर जाल्यार दोन बेळे काडतात.

भात, मूग, कुळीत, उडीद, असले बेळे काडतात बाजिपालो–देटया बाजी, भेंड सांग, वांयगे, बोबळें, कुवाळो, दुदीं, मोगे, तेंडले तवशें पडवळें घोसाळें, कारातं रोयतात, पेर, काज, आंबो, पणस, हाचीं कृशी करतात.

रांदपा अयदानां मडके, कापल, कोळसो, कुंबार करून विकरे करतालो, दरयाचे 'खार' उदकांत मासळी (नुस्तें, झळकें) पागतलो, तो खार्वी जालो, रूखांचे बांक, मेज, दार, किडकी (जनेल) कुर्ची, माणय, सांभर्डो, वस्तू तयार करतल्याक 'सुतार', घरां बादेंतेल्याक 'मेस्त' म्हणतात.



सोने, रूपे, नग–पांयजणां, कुडकांजोड, कंटी, कांकणां भांक सरपळी, नोती, नेवाळें, मुदी, तयार करतल्याक 'शेट' या सोनार म्हणतात.

खोरे पिकास, नागर, जूंव, कोयत्यो कांताणे अशें लोकंडाचे वस्तू तयार करतलेक 'लोहार' म्हण आपयतात.

शिकपाचे काम आनी पूजा विधी करतालो ब्रामण, गोडशै आनी तांदला खाण, चणेपिटाचे खाण करताल्याक चापटेकार म्हणताले.

गांवटी भोवारातलें चडावत लोक जात भेद नास्ता पोस–मोनजातींक पोस्ताले. कृशी – सागेळी करतलो सारे, गोबर, शेत, कोसूंक रेडया – बैयलाक, थोडी–दुदा खातीर, म्हशी, गाय, बोकडी, मासा खातीर दुकर कुंकडा पोस्ताल । गोटयातलें, घुडातलों शेण, म्हेळे शेता बाटांक बरो इट जाता.

आधुनिक कालाचे शहरांत आनी पेंटेंत कैगारिको दफतर उगडली आनी शिक्षीत लोक हें कामाक लागले म्हागडयांची धंदो सोडलें

समाजांत हर एक समुदयांत दुसरे समुदायाक सहकार दीवन एकामेका मदे काममोग, मायपास रूता जाता. एकतान, समुदायेंत, मानान, धनान, गौरवान, तकली उकळनू जीवन करच्याक साध्य जाता. हाका आमी आदर्श समाज म्हणयेत.

वित्ती बेंगलूर

लेखकाची वळक :

वित्ती बेगंलूर कविता तर्जण बरोंवचा कोकणी चळवळेंत पात्र घेतला कवी चाफा डि' कोस्ता विशींत अध्ययन केला. कन्नड, समाजशास्त्र, पत्रिकोध्यम आनी समूह संवहन – ह्या विशायाती पदवयुत्तर सतदयो ताणें जोडल्यात.

आशय : समाज जीवी मनशाक सहकार भोव गरज । कोकंणी लोक वेवेगळ्या कसबा दवांरि एकामेकाक कुमकेक पावतात अशें सहकारन विणलली समाज रचुंक शिकंया ।

अभ्यास

I. शब्दांचो अर्थ

ग्रास = खाण – पीवन
जमे = समुदाय
शिकारी = रानवट मोनजातींक मारतालो
बेसोर = कुडीक मतीक चड श्रम
पाग = सांबोळ, पगर
भोंवोंर = प्रदेश
कसबां = वृत्यो व्याप्त

II. अर्थ प्रकार मेळोवन बरय:

1. खार्वी :	नग तयार करता	
2. मेस्त :	लाकडा थावन वस्तू करता	
3. सोनार :	लोंकडा थावून वस्तू तयार करता	
4. लोहार :	मासली पगता	
5. सुतार :	घरां बांदता	

III. वस्तूची पट्टी कर:

अ. राना उत्पन्नां आ. रादंपा आयदाना इ. लाकडाचें वस्तू ई. नग

उ. लोकंड़ा मिलावाच्यो वस्तू ऊ. कुमेरींत करची रांदवय ऋ. वाली बेतांनी वोळच्यो वस्तू
ए. कृशी खातीर वापारची साधन .

IV. ह्या सवालांक एका वाक्यायो जाप बरय:

1. खंच्या प्रदेशाक कोंकण करावळ म्हणतात?

2. उदका सवलतय आसल्यार कितली बेळे काडयेत?

3. दोन भाता– बेळयां मधचें अवदेंत खंचया धानीचें उपबेळें ओंयतात?

4. मात्येंची अयदना करताल्याक कितें म्हणतात?

5. शेणा थावन कसलो फायदो जाता?

6. दुदा खातीर कसल्यो मोनजाती पोसतात?

7. सुर मेळता त्या रुकांचे नांव कितें?

V. ह्या सवालांक दोन या तीन वाक्यानी जवाब बरया:

1. कोंकणी उलोवची लोक खांच्या प्रदेशानी आसा?
2. कोंकणी लोक दिस्पडतो ग्रास कसो जोडता?
3. सिद्धी आनी कुडमी लोक कसलो वावर करताले?
4. कुमरींत कसली कृशी करतात?
5. सुनारी कसलो वस्तू करता?
6. भांगर आनी रुप्या थावन कसलो वस्तू करतात?
7. लोंकंडा – मिलावा थावान कसल्यो वस्तू करु येतात?

8. आयचे पिळगेंन आदल्या वृत्तें थंय कित्या खातीर अभिमान भोगूंक पाव?

VI. बरपीन उल्लेख केले खंयचेय सात धंदो करचे सामाजीक पंगडांची पट्टी करा

VII. तिकटयेंतले योग्य शब्द विंचून रिते जागे भर

कसब, गौडा, खार्वी, रत्नगिरी, लाकूड, केरळा सुतार, सिद्धी, कर्नाटक, कोच्ची, गोंय

1. महाराष्ट्राच्या [ ] थावन [ ] [ ]

   आनी [ ] च्या [ ] वरेग कोंकणी उलोवपी लोक शिंपडल्या.

2. खाण, वस्तूर, आयदाना इत्यादी वस्तू तयार करचाक आमी [ ] म्हणतां

3. [ ] लोक अर रानवट प्रदेशांत वस्ती करता.

4. बांक, मेज, दार, असल्यों लाक ाचो वस्तू करतल्याक [ ] म्हणतांव.

5. [ ] दरंयात तशें न्हंयींत मासळी पागतात.

6. [ ] फोडचो कसराचो वावर.

VIII. कोंकणी म्हालगडचांची लागी उलोवन ह्या संगतीची वळेरी करा

अ. पोस मोजाती इ. चड् बेसोराच्यो धंदो
आ. रानवट् मोनजाती ई. उणया बेसोराच्यो धंदो

IX. ह्या पाठांत उल्लेख केल्या रांदवय कृशी उत्पन्नांची वळैरी करा

1. [ ] 2. [ ] 3. [ ]

4. [ ] 5. [ ] 6. [ ]

X. विरोध अर्थ बरय

1. सहकार x _____
2. चड x _____
3. आदी x _____
4. गांव x _____
5. खार x _____
6. अस्तम्त x _____
7. रानवट मोनजात x _____
8. भद्रती x _____
9. अभिमान x _____
10. थोडें x _____

XI. 1. तुज्या गांवांत, शेजारा वा वठारांत माड, माडी चडचे वृत्तेचो या कोशलेचो भक्ती आसा तर ताका मेळन तांचे वैयक्तीक संदर्शन करन एक चार्टांत ताचे तस्वीर सांगी बरोवन दाकय,

XII. तुज्या वडिलानी करच्या व्यापती विशीं माहेत संग्रह करन एक लेखन तयार करन इस्कोलच्या 'कळोवणे–फळियेर' घाला.


XIII. शेतकारा लागीं संवाद करुन ह्या बेळयां विशीं समजून घे .

ऐणोल, कोळकें सुग्गी

पाठ – 3
पद्य

नीती सुभाषीत

E7L3L4



वाटेर उभो रावूनाका
फट्टी पळोवन चलनाका
खोटे सब्द बोलुनाकारे बाळा म्हज्या

तापा लागीं खेळूनाका
माफ मागोंक लजेनाका
शाफ केदनाय घालूनाकारे बाळा म्हज्या

काळोंकांत धांवनाका
सळ धरून रडनाका
ताळो उबारून उलोवनाकारे बाळा म्हज्या

गोड म्हणून गिळुनाका
कोडू म्हणून उडयनाका
रेडे म्हणून बडयनाकारे बाळा म्हज्या

तुटचे परयंत वडनाका
मोडचे परयंत बागयनाका
लोटचे परयंत रावानाकारे बाळा म्हज्या

खेळांत राग धरूनाका
गळो परयंत पिवूनाका
गाळी दिवचे सोवूनाकारे बाळा म्हज्या

सत सांगूंक भिवनाका
घात मतींत उरोवनाका
मीट वरतें खावूनाकारे बाळा म्हज्या

फट बिलकूल मारूंनाका
बोट दाकोवून हासुनाका
खोट उबारनाकारे बाळा म्हज्या

– संग्रह

कवितेची झळक:– अल्लूभायेन (अलीस एम् रोड्रिगस संग्रह केल्या अनामिक बरपीचे कोंकणी लोक गीतांतलें हें नीती सुभाषिता विंचून काडला स्वामी सुप्रियान हें जनपद साहित्याचें भंडार संग्रह केला. ह्या कवितेंत मनशाक आसचे बरें वर्तन साहितीक रितीन समजायला.

अभ्यास

I. शब्दांचो अर्थ

बोलूनाका = उलयनाका
माफ = भोगसाणे
सळ = हट
घात = फटोवचे
शाफ = शिराफ
सोवूनाका = वायट उलयनाका
बोट दाकोवचे = गुन्यावकार करचें
फाटी पळोवचे= जवाब्दारी भावून चुकोंवक पळोवचें

II. विरोध शब्द बरय

फाटी	x		सत	x	
हासता	x		काळोक	x	
भय	x		तुटता	x	

III. अन्य लिंग रूप बरय

1. बापूय
2. भाव
3. चलो
4. आजो
5. सांत

IV. अन्य वचन बरय

1. दाकल्याक – मेट – मेटां
2. तोट
3. रेडो
4. बोट
5. सत

V. एकामेका मेळय

1. माफ मागोंक	मारूनाका	
2. तापा लागी	खावूनाका	
3. फट्ट बिलकूल	लजेनाका	
4. सत सांगूंक	खेळूनाका	
5. मीट वरते	भियेनाका	

VI. योग्य शब्दान वाक्य पूर्त कर

1. _____ बोलुनाकारे बाळा म्हज्या –
2. ताळो _____ उलोवनाकारे
3. _____ मागोंक लजेनाका
4. सत सांगूंक _____
5. _____ म्हणून उडयनाका

VII. ह्या वाक्याचो अर्थ जिणाक लागू करून चार पांच वाक्यानी बरय

1. कोडू म्हणून उडयनाका
2. मोड्ता परयंत बागायनाका
3. बोट दाकोवून हासूनाका

VIII. एका वाक्यान जवाब बरय

1. खेळताना किते करूंक ना?

2. कशें उलोवूंक नज?

3. खंय उबो रावोंक नज?

4. कोणालागीं खेळूंक नज म्हणून कवी सांगता?

5. मतींत कितें उरोवनाका?

IX. चूक वा सार्के बरय आनी चूक आसलीं वाक्या सार्के करून बरय:

1. पाटीं पळोवन चलचे
2. तुटता परयंत वोडूनाका
3. गळो परयंत पियेचे
4. गोड म्हणून गिळूनाका
5. काळकांत धांवूनाका

X. दिल्ले शब्द वापरून अर्थभरीत वाक्य बरया:

1. माफ मागचें
2. सळ धरचें (हट करचे)
3. ताळो उबार
4. बोट दाकोवचे

5. फटी पळोवचे

XI. दाकल्या प्रकार बरया:

दाकल्याक – रड – रडूंता – रडुंक

1. धांव – ____ – ____
2. खेळ – ____ – ____
3. घर – ____ – ____
4. राब – ____ – ____
5. हास – ____ – ____

XII. दिल्या शब्दांत प्रासांक लागचो शब्द बरय:

दाकल्याक – रावूनाका – चलूनाका

1. गिळूनाका ____ 2. वोडीनाका ____
3. हासूनाका ____ 4. धावूनाका ____
5. भियेनाका ____

XIII. पद पुरतें बरय?

1) सत सांगूक .....

.....

.....

..... बाळा म्हज्या

XIV. मनशाक आसचे पांच बरी चलवण बरय

XV. तुज्यांत आसल्या बरी चलवण वळेरी कर

पाठ – 4
गद्य

कोंकणीक गौरव हाडून ग्रेस्त केल्ले म्हालगडे

B7N8A7

1. ज्ञानपीठ प्रशस्ती विजेत पद्मविभूषण रवीन्द्र केळेकार




भारतांत साहित्याक मेळची व्हडली प्रशस्ती भारतीय ज्ञानपीठ पुरस्कार 2006 वे इसवेंत कोंकणी साहित्याक दिल्ले देणगे खातीर पयले फ़ाटी रवींद्र बाब केळेकार हांका मेळ्ळ .

गोंय राज्याचे प्रियोल गांवांत रवींद्र बाब जल्मलो. गोंया विमुक्ती आंदोलन आनी कोंकणी भासेक भारत संविधानाचे ८ वे परिच्छेधांत स्थान मेळचे खातीर ताणे प्रमूख पात्र घेतलें . गांधीवादी, लेखक, विचारवादी, तत्व शास्त्रज्ञ, खगोळ प्रेमी जावन लोकालें मन जिकलां .साठ वरसां थावन कोंकणी साहित्याची कृशी केल्ले रवींद्र बाबान हिंदी, मराठी भासेचे साहित्याक आपण्याली देणगा दिल्या .

नवी शाला, हिमालयांत, महात्म, अशें आसिले गांधीजी, कथा आनी काणियो, तुळसी, भज गोविंदम, उज्वाडाचे सुर्, मुक्ती, तीन एक तीन, लाला बाला, ब्रहमांडातंले तांडव, पंथस्थ, समिधा, सर्जाकची अमर कथा, हीं सगट सयत ताणे 100 पशे चड प्रमुख कोंकणी साहित्य् रचयिल्य । महाभारत महाकाव्य ताणे कोंकणीक भाषांतर केलां । 'जाग' नियतकालिक कोंकणी पत्रिकेचे संपादक जावन वावर केलां . ताणे कोंकणी भासेक हाडलेले गौरवाखातीर ताका भारत सरकारान पद्म विभूषण प्रशस्ती दिल . कोंकणीचे पयलें ज्ञानपीठ हाडून कोंकणीक भारताचे चरित्रेंत विशेश स्थान ताणे दिवयलें.

2. कोंकणी साहित्य कला रत्न – चा.फ्रा

चा.फ्रा नावान नावाधीक जालो चार्ल्स फ्रान्सिसदे कोस्ता उंचलो कवी, नाटककार आनी पत्रकर्त. इसवी 1930 तुं मंगळूर शारांत जल्मललो चा.फ्रा हांगा शिकप कोरुन मुखार मुंबय गेलो. थंय 'इलेक्शन कमिशन' आनी 'बेस्ट' बस्स कंपनींत काम करून 1969 तूं मंगळूराक आयला .



नाटककार चा.फ्रा: ताणे कोंकणी नाटकांक नवें रूप दिलीं, एकांक नाटक बरयलें . बळाधीक उत्रां, शब्दाचें अलंकार, विषयाचें गुंडाय, पात्रांचे भरम हें सगट ताचें विशेशता . 'निष्ठुर बोतल' 'तरने तर्ने मोरने' 'सुणे माजार हास्ता'. 'मागेरचें मागीर' 'भांगार मनीस', सोशीत संसार, अंक्वार मेस्त्री, जुजे दयाळ, विशेंतिचें भाव, शिरिगुंडी सिमांव, टोमेटो, मांकडांचो पांय, कुवाळ्याची वाल, हांडो उटला हीं चा.फ्रा चे लोकप्रीय नाटकं ।

कवी राय चा.फ्रा: ताचे कविता 'सपनांतलें राज्य' आकाशवाणींत प्रसार जालें. 1989 तुं सोंशावे काना क साहित्य अकाडेमी प्रशस्ती मेळ्ळी. दुसरी कविता मंगळूर आनी मुंबयसून प्रगट जालीं.

पत्रकर्त चा.फ्रा: 1951 सून 'पयणारी' पत्रिकेंत बरपी आसून 1959 तूं ताचो संपादक जालो. उप्रांत 'विशाल कोंकण' आनी 1967 इसवेंत 'उदेव' पत्रिका सुखात केलें . लोका मदें बरेपणार कर्नाटक कोंकणी भाशा मंडल आनी कोंकणी अकाडेमी घडूंक ताणे वावर केलें . 1990 तूं ताका मंगळूरांत 'कोंकणी कला रत्न' बिरुद मेळो.

– पाठ पुस्तक समिती

आशय : कोंकणी भास आनी साहित्य श्रेष्ठ केल्या म्हालगडा विशीं समजून घेवचें गरजेचे . ह्या वर्गाच्या दोगां म्हालगडयांचीं वळक ह्या पाठांत दिल्या ।

अभ्यास

I. चा.फ्रा. च्या जिणीये घडिताच्चो इसव्यो दिल्यात त्या वरसाचें घडीत वाक्यान बरय

अ) 1931 आ) 1948

इ) 1952 ई) 1951

उ) 1959 ऊ) 1967

ए) 1989 ऐ) 1990

II. हे शब्द वापरुन वाक्य कर

1. उदरगते खातीर
2. लोकप्रीय
3. देणगी
4. नियतकालीक

III. कोंकणींत प्रसार जावचीं, ह्या वर्गचया पत्रांक दोन दाकले बरय

वार्षिक	
मासिक	
हफतयाळें	
दिसाळें	

IV. 'पण' मेळोवन शब्द रचुन बरय दाकलयाक: उणे – उणेपण

बरें		व्हड	
खोटें		खरें	
भोळें		ल्हान	
खालते		सादें	

V. सहित्याचें पांच वेवेगळे प्रकार खयचें? हरयेका प्रकाराक एकेक दाकलो दि.

VI. दाकलया प्रकार शब्द रच

बरोवचो – बरोवपी

शिकोवचो		खेळोवचो	
उलोवचो		रच्चो	
गावचो		वांटचो	
रादचो		नाच्चो	

VII. एका वाक्यान जाप बरय

1. वया वरसा ज्ञानपीठ प्रशस्ती कोणाक मेळळीं?

2. रवीन्द्र केळेकर खंयसर जलमालो?

3. रवीन्द्र केळेकर खंयचया पत्राचो संपादक जावनासल्लो?

4. चा.फ्रा.चें सगळे नांव कितें?

5. इसकोलांत शिकोन आसताना चा.फ्रा.न खंयचो नाटक बरयलो?

6. केन्द्रीय सहित्य अकडमी पुरस्कार लाभलो चा.फा.चो कवितां झेलो खंयचों?

7. रवीन्द्र केळेकारान खंयचो पवित्र ग्रंथ भाषांतर केला?

8. चा.फ्रा.न खंयचया पत्रंनि वावर केला?

VIII. दोन–तीन वाक्यनि जाप बरय

1. 'कोंकणी आंदोलनाचे 'जिवांत दांत कथा' म्हुण रविन्द्र केळेकराक कितयाक वळकुन घेतात?
2. रवीन्द्र केळेकरान रचलया थोडया कृतियाचीं नांवा बरय
3. चा.फ्रा.चया नाटकचीं विशेषता कितें?
4. चा.फ्रा.क उत्तीम परगट उलोवपी म्हुण कितयाक म्हुण्तात?
5. चा.फ्रा.चे खासिग जिणीये विशी ४ वाक्या बरय
6. चा.फ्रा.क कविराय कितयाक म्हुण्तात?

IX. भाषाभ्यास : देकी प्रकार बरय:

सहित्य – सहित्याक – सहित्यांत – सहित्या निमतीं

1. कोंकणी

2. वावर			
3. हिंदी			
4. काम			
5. नाटक			

X. कोंकणीक भाशांतर कर

1) Basaveshwara was a religious and social reformer. He preached social equality and compassion towards downtrodden. He was also a great literary figure.

2) **कोंकणीक भाशांतर कर**

ಮಾನವನು ಸಮಾಜ ಜೀವಿ. ಆತನು ಹಲವಾರು ವರ್ಗದ ಜನರೊಡನೆ ಸಹ ಬಾಳ್ವೆ ನಡೆಸುತ್ತಾನೆ. ಅವನಿಗೆ ಅನ್ಯರ ಸುಖ ದುಃಖಗಳನ್ನು ಅರ್ಥೈಸಿಕೊಳ್ಳುವ ಸಾಮರ್ಥ್ಯವಿದೆ. ಮಾನವನು ತನ್ನ ಆಹಾರಕ್ಕಾಗಿ, ವಸ್ತ್ರಕ್ಕಾಗಿ, ಸಂಚಾರ ಮತ್ತು ಸಂವಹನಕ್ಕಾಗಿ ಇತರರ ಮೇಲೆ ಹೊಂದಿಕೊಂಡಿರುತ್ತಾನೆ.

3) **कन्नडाक भाशांतर कर**

आमी भारतची परजां. भारतांत आमी विवीध धर्म अचारण करतांत. भारतांत सबार भासो वापरतात. साबार जातिकातीचो लोक हांगसर संतोसान जियेता.

XI. नियोजीत वावर :

ज्ञानपीठ प्रशस्ती मेळल्या एका साहितीची वळक १५ वाक्यनी बरय .

XII. चा.प्रा.चो खंयचोय एक नाटक संग्रह करून वाच .

XIII. गोंय राज्याच्या आनेक साहितीची वळक १० वाक्यनी बरय .

XIV. सकयल्या वाक्यांतलें नामपद क्रियापद आनी विशेशण विंगड करन बरय

1. राम घरा गेलो, ताचें घर इस्कोला लागीं आसा

2. शीला नाचलें. ताचो सुंदर नाच पळोवन लोक संतोसभरीत जालो.

3. मंगळूर थावन पुत्तुर गेल्लो पेदरु ती व्हड पेंट भोवलो

4. आंबो जिवाक बरो. तूं आंबो खा


नामपद			
क्रियापद			
विशेशण			

हें वाच : कोंकणी, भारत देशांत वापरची एक ग्रेस्त भास. कोंकणी गोंयची राज भास . कर्नाटक, केरळ, महाराष्ट्र राज्यांनी ही भास वापरतात . कोंकणी भाशेंत आदल्या पांयशी वरसां थावन बरपा रितीचें साहित्य आसा . पूण कोंकणी लोकाचे ग्रेस्त आनी पुरातन जानपद आनी थोडीं साहित्या अद्ययनाक मेळा . कोंकणी भाशेंचे साहित्य ग्रेस्त करूंक साबार कृतिकारानीं वांवट काडल्या .

पाठ – 5
गद्य

मनश्या जिणीये भोंवरीं
रुख – झाडां

N4A2Z3



प्रकृतिचे विस्तार रानांत रुक, झाडां वाली, आनी तण, वळूंक येता. मोनजातींक सुकणीं सावजांक, जीवदाळींक, गार – शिरलो, शिरली, हर्याळी. किडी आनी किटांक आश्रय दिता. भूंयिक रुक झाडाच्यां पाचव्या पानां थावन प्राण वारें मेळता . मनशाक खाण, वारे, थंडाय मेळता, असली मोलाधीक राना आज संसार थावन नास जावन येतात .

रान नास जाल्यार मनश्याकुळाक बरे न्हय । आमच्या जायते देशांत प्रांतयांत उबारला सुंदरलाल बहुगुण, डा: शिवराम कारंत, डा: कुसुमा सोरबा हाणी चीतावनी दिले . आनी सालुमर तिम्मक्क हाणी रस्तांच्ये रुक–झाडा लावचाक सुरवात केली .

मनश्याले जिणयेक आधुनीकपाणाचे वादळ आपटोंचे आदी मनश्याकुळ ताच्या गर्जांक राना मधेंचे वाली साली, आंकरी आनी पाना–पाळा वापुर्ताले किरात्याचो कोडू कसाय पियेताले पावसाळ्या आनी हिंवाळ्या महिन्यांत मिर्याचो कसाय पियंताले. गिमांत कुडीक थंडाय मेळूंक बेणसीचे आंकरेचो कसाय पियेताले .

रुका झाडांच्या पानां आंकरा मधें रंगांचा फुलांक, तांबड्या रंगाच्या दसमिच्या फलांचो पाकळ्यो, महस्काची फुला, फर्माळांचे मोग्रेकळे, हळदुवा रंगात सोभचे वागानाक्षी झाडां गांवांची वकदीं तयार कर्ताल्यांक गरजेंचे .

भारताच्यो राना मधें पावसाळ्याचे सुरवार मेळचे "भुंयचट"नांवांची आळंबे आतुराय उबजयतात तसेची नवे आवाजार कमरी रुका पाडींत ही धरात आसचे पोण्सा बिकणाक ही आळंबे भर्शीक घाला रांदतात, हीरुच विद्यार्थिनी मुकारुन वारुंक जाय ना.

रानां वाडोवचाक आनी आसली रानां सांबाळूंक गांवानी सांगात पणान वावुरचे पडता . घरा भोंवारी एक फळ दिवचे रुकांचें झाड़ लांवचे त्या झाडाक आपल्या पसंदेचें नांव दिवका त्या फांटयार सुकणयांक पोसका.

वाडलेल्या फांटया मधें दोन अंमृतवालीची कुडके दवरन सोडचे अमृताअल्ल प्राणवारे जिवींक लाभयतात.

मनश्याक गरजेंचे प्राणवारें त्या उप्रांत गरजेंचे खाण जावन पणस जाबजां जांबां बेणसा, चुर्णाफळा. बीरिंडा सांपेरां काणेरा, काटेरी फुळा पालपणस, अशें जायते फळ, भोंवारांत लाभता घराक जाय पडचें रुकाड, वाशे, पालपण्शी, सावलेरुक आंब्यारुक अशें घरांक मोप जावन वापरतात . बिटी, गंधा रुकांक भांगरा तितले मोल आसा.

अशे मनश्याजीण्येचें सुरवांचे पाळणें धर्न जीणीये आंकरेचे घाडिये पर्यांत गरजेचे रान उरोवन घेवचाक आमी मेहनत घेवका . प्राणवारे जाय तितले लांबच्याक रानां संबाळची उरब दाकयली ना तर मुकारच दिसानी पाटीर . व्हावोंच्या पुस्तका मधें प्राणवारें भरल्लें सिलिंडर वाहवोंची गत येताली!! सारकी विंचोवण ही आयीन्न घडी न्हय?

– डेवीड डि'सोज. वामंजूर

लेखकाची वळक:

डेवीड डि'सोज. वामंझूरांत हो रुक, झाडां, भूंय. परिसर जिवी भलायके हाचे अद्यायन करता . कोंकणीक कोंकणीसून भायर तर्जुन करता .

आशय: रुका, झाडां मधें मनश्या भोव भलायके भरीत जाता प्रकृतेचो पाच्वा भोंवार रुकान संबाळ्याक आमी वापरया ।

अभ्यास

I. सब्दांचो अर्थ:

प्राणवारें = आक्सीजन
निराळपोट = कितेंच सेंवचे पयलेंचे पोटाची स्थिती
खाण = पीवन
रान = अरण्य रुक झाडा दाट आस्चो जागो
जयत = व्हड
प्राण = स्वास
काळजी = आसक्त
नीराळ पोटाक = खाली पोटाक
ताडूंन = सांबाळून
कसाय = कोडू तांड = वोड
गिमाळो = उबाळे दीस

II. अन्य वचन बरय

वासो –		सुकणें –	
रान –		वाल –	
जीवदाळ –		झाड –	
फांटो –		पाळ –	
पान –		फूल –	
बोंगो –		पाकळी –	

III. विरुद्धार्थक बरय

शिकपी	x	सुरवेर x	
म्हेंळे	x	पाटल्या x	
ग्रेस्त	x	जवाब्दारी x	
आधुनीक	x	नितळ x	
थंडाय	x		

IV. वाक्यांनी प्रयोगकर

आकांत उब्जोंवचे

ताडूंन धरचे

सुरवात करचें

सांडून वचें

अटापून आसचें

उरबा दाकोंवचे

V. दिल्ले सब्द वापरुन वाक्यां पुर्ती कर.

(देस, कसाय, तेंको, आळमी, वागानाक्षी)

1. रान मनश्याजीणयेक कुमके

2. कुडीक थंडाय लाबच्याक बेण्सीचे आंकरेंचो पियेताले .

3. गांव्टी वकदां तयार कर्तल्यांक [ ] जेचें.

4. घडघडयाच्या आवाजार कांर्मर रुका पाडीत आवाळ्या तेदीं [ ] उब्जातात.

5. राना वाडोवची आनी सांबाळ्ची उर्बा [ ] बांदच्याकाम आदार दिता

VI. जोकत्या सब्दान वाक्य पुर्तें कर

1. पृथवेक रुक झाडांच्या [ ] थावन प्राण वारें मेळता.

2. जीब आनी दांत नितळ करुंक [ ] आनी [ ] रुकाचें पानां वापरताले.

3. वालिचेर पानां मधें [ ] पळोंवक मेळता.

4. अमृतवाल म्हळ्यार [ ] वाल म्हळ्ळो अर्थ

5. मनश्याक गर्जेचें प्राण [ ]

VII. एकामेका मेळय

1. कुडीक थंडाय	तांबडी दस्मीचीं फुलां	[ ]
2. रगत आनी पोट नीतळ	वेवेगळ्या रंगाची फुलां	[ ]
3. शेळ आनी थंडाय	किरात्याचो कसाय	[ ]
4. तांबड्या रगता कण	बेणशी आंकरेचे कसाय	[ ]
5. मनश्या दिश्टीक	मिर्याचो कसाय	[ ]

VIII. एका वाक्यान जाप बरय

1. रान म्हळ्यार कितें?

[ ]

2. रानांच्या सर्व जिवींक आसरो दिता?

3. राना नास करचे विरोध आवाज उटयिल्या थोडया व्यक्तींची नांवां बरय

4. मिरिंयांचो कसाय कित्याक पियेताले?

5. रचने मधें बोवच आतुराय उब्जोंची गजाल खंचें?

6. रानां नास जातानां जाग्वणी पाठयल्ले मानेस्त कोण?

7. सालुमर तिम्मक्काचो वावर कसलो?

8. "कण्णी" म्हळ्यार कितें?

9. वालीर कितें सर्व पळेवचाक मेळता? भुंयचट म्हळ्यार कितें?

10. अमृतवाल म्हळ्यार कितें अर्थ जाता?

11. रानां सांबाळनांव तर मुकल्या दिसांनी कसली गत येत म्हणता लेखक?

IX. चार वा पांच वाक्यांनी जाप बरय

1. रानां थावन लाब्चो लाभ बरय
2. मनश्याकुडिक व्हाव्या थाव्न येवचे त्यो दाशी निवार्न घेंवक म्हालग ानी विंचलीं विधानां कसलीं?
3. वकतां गूण आसची झाडां/फुलां/फळां खंयची कसले वक्तां गुणतीं आटापतात?
4. रानां सांबाळूक आमी कितें करयेत?
5. रुकां थावन कसले फायदे जातात?
6. आसक्त तशी दिस्ची वाल आपणाक कशें सांबाळन घेता? विवर दी
7. राना थावन मनश्याक कसलो सर्व उपयोग आसा?

X. रुक जावचें एक झाड लावन ताचें पालन–पोशण हंता हंतार परिशीलन कर्न बरोवन दवर .

XI. तुज्या हित्लांत तुवें रुता केल्या फुलां झाडांच्या तोटा विशयांत उण्यार धा वाक्यानी बरय .

XII. झाडांचें पिंतूर बरोवन ताचे भाग कोंकणीन गुरत कर .

XIII. विवीध रुकाचीं विवीध फुलाचीं नांवं बरोवन एक वळेरी कर .

XIV. झाडाचें चित्र रचून ताचे भाग कोंकणीन गुरुत कर .

XV. वकदांच्या झाडांची नांवा आनी उपयोग बरय.

दाखलो :

तुळसी	दरकाल, कफो

पाठ – 6
पद्य

भागी



म्हाजा हितलांत
रुका फांट्यांनी, केळंब्यां बोंडियांनी
फुकटाक येवन
स्वाद चाकच्या सुकण्यानो
पणास कांतोंवच्या चानियानो
पोपाय कोंकच्या कावळ्यानो
फुलांचे म्होंव चिंवच्या भ्रमरांनो
धर्तेर सरच्या जीवदाळिनो
कितलें तुमचें धैर्य?
लाखांनी येटून
सुवात घेतल्ली हांवे
सरकारी सुंक भरुन घर बांदल्लें हांवें
कश्ट काडून रूक झाडां
लायिल्ली हांवे
घाम पीळन पोस केल्लो आसता
घास घालन नश्ट करच्या
तुमच्या धैर्याक कितें म्हणू?
म्हजे बरी तुमी
जाल्यात जाल्यार म्हज्या
जाग्यांत तुमका घेतोलोंगी?
ना, बिलकूल ना
कित्याक?
तुमी एकाच जाग्यार रांवचीं नांत
तुमका परदेशीय म्हण्चेनात
जाग्यांची गडयी तुमकां कळशी ना
तुमकां आशाय आसची ना

जाणांतगी तुमी? म्हजा अबलेसा बरीं
कित्याक म्हज्या स्वार्था बरीं कळचें ना तुमका जीवूंक
हांव उलयता तुमी उलोयनांत
हांव पुंजायता, तुमी पुंजायनांत
म्हाका मर्याद आसा, तुमका ना
म्हाका सुंक आसा, तुमचेकडे दुडूच ना
म्हाका लज आसा, तुमका लजच ना
तुमींच भागी
तुमका कोणायची परवाहच ना.

–श्री मनु बॉर्हेन

- **कविची वळक :**

  विदेशांत वस्ती करुन आसच्या श्री मनु बॉर्हेन ताचे पावुण्शें वयर कविता पत्रांनी फायस जाल्यांत कादंबरीगार जावन ताणे नांव घेतला .

- **कवितेची झळक:**

  मनीस स्वार्थान मेर घालता . मोनजात श्शीम विणें स्वतांत्रायेन भोंवोन दीसपडचो ग्रास जोडतात. पूंजांवची गरज तांकां ना . बंदड भोगना . मनश्या स्वार्थ अशीर चिंतपादारेक कारण जाता . कवी मोनजातिंच्या विशाल जीणिये रितिची प्रशंसा करता . 'विश्वमानव', 'जागतीक हाळ्ळी' परिकल्पनाक पश्टी दिता . मेलविन रॉड्रिगसान संपादिल्या "कुपां पोंदलीं मुकां" कविता संग्रह थावन ही कविता विंचल्या .

अभ्यास

I. शब्दांचो अर्थ

फुकट = धर्माक, फुंक्याक;
भ्रमर = म्होवामूस;
अबलेश =लेकावर्ती आशा, पोटार्दपण;
गड = शीम
स्वाद = परमळ, रूच
धरती = भूमी,पृथ्वी;
पर्वा = फिकीर, गुमान

II. विरुद्धार्थ बरप

फुकट	x		धैर्य	x	
कश्ट	x		स्वार्थ	x	

पर्देशी x ☐ मर्याद x ☐

भागी x ☐ ☐

III. बहुवचन बरप

1. फूल ☐ 2. झाड ☐

3. जीवदाळ ☐ 4. रूक ☐

5. घर ☐

IV. एका मेका मेळप

1. फुलांचे म्होंव	तुमी उलोवनांत	☐
2. कश्ट काडून	तुमकां लजच ना	☐
3. हांव उलयता	चिंवच्या भ्रमरानों	☐
4. म्हाका लज आसा	तुमचे कडे दुडूच ना	☐
5. म्हाका सुंक असा	रूक झाडां लायिल्ली हांवे	☐

V. एक वा दोन वाक्यान बरप

1. हे कवितेंत उल्लेख केल्या जीविंची नांवां बरय .

2. मनशाक आनी जिवींक कसलो व्यत्यास आसा म्हण कवी सांगता?

3. कवी कोणाक भागी म्हणता?

4. जिवदाळी खंयसर चरतात?

5. फुलांचे म्होंव कोण चिंवता?

6. दुडू आमकां कित्याक उपकारता?

VI. तिकटयांत दिल्ले शब्द विंचून रिती सुवात भर

(आशा, सुकणीं, गड, हितल, अब्लेसपण)

1. मनीस स्वार्थान _____ घालता .
2. _____ मनशा जिणयेंत अर्थ दीना .
3. मनश्याची _____ स्वार्थाक वरुन पायता .
4. हितलांतल्या रूक झाडांनी _____ वस्ती करतात .
5. घर भोंवतणी आसच्या विशाल सुवातेक _____ म्हणतात .

VII. समनार्थ शब्द बरप

स्वार्थ		भूमी	
मेर?		सुवात	
अब्लेस		पुंजांवचें	

VIII. हे कवितेंत स्वार्थ आनी निस्वार्थ वर्तन कशें विवरला? विवर दी .

IX. दाखल्या प्रकार बरप

रूक झाडां

सुकणीं		फूलां	
घर		मान	

X. हे शब्द वापरुन वाक्य रचन कर

1. स्वाद चाकच्या	
2. पोस कर	
3. पुंजावन दवर	
4. लज भोगची	

XI. पद पुर्त कर

तुमीं एकाच जाग्यार रांवची नांत

.....

.....

.....

.....

.....

कित्याक?

XII. हे कवितेचे सारांश तुच्या उत्रांनि बरय ।

XIII. श्री मनु बॉर्हेन हाच्यो हेर कविता वाचुंक प्रयत्न करात ।

पाठ – 7
गद्य

आमचे भोंवतणिचीं धार्मिक थळां

M9H8Y3

मनश्या समाजेंत धार्मीक थळांक तांचोच महत्व आसा . हे जागे मतीक समाधान उल्लास, धैर्य आनी आध्यात्मीक विश्वास दितात . हे धार्मिक आनी सांस्कृतीक थळां विशीं समजून घेवया ।

धर्मस्थळाचें मंजुनाथेश्वर देवळ :



धर्मस्थळाचें मंजुनाथेश्वर देवूळ आमच्या गांवचें एक प्रमूख धार्मीक, आध्यात्मीक केंद्र . हें एक सोभीत दोन सुतां आसचे देवळ . भायल्या सुतांत नाग, अण्णप्पा, पंजुर्ली, विश्णुमूर्थी, कलेरित्ताया आसल्या दैवांक टाणें केला . भीतर मंजुनाथ आनी देवीचें कूड आसा .

हांगासर जैन कुळवारांचें मुखेलपण चलता. प्रस्तुत डा. विरेंद्र हेग्डेच्या हाथाखाल देवळ प्रगतेचीं मेटां काडून आसा . हेग्डेक उलोंवचो देव म्हण मानतात . तो लोकाक बरे वाटेन चलचे वरी प्रेरण दिता .

कार्तिक दीपोत्सव वेळीं हांगासर देवळाक पणत्यो पेटोवन उज्वाड करतात . गांवच्या लोकांक शिकपाची, साहित्याची ओड वाडोवच्या खातीर साहित्य सम्मेळन, पुस्तक प्रदर्शनी आदिल्लें चलयतात.

हे देवूळाचो वार्शीक महोत्सव बेशंतल्या संक्राते दीस सुर्वातून दोन दीस चलता । ते दिसानी देवळाच्या सर्व देवांक पूजा करतात .

डा. विरेंद्र हेग्डेच्या मुखेलपणार सर्व धर्माचो सम्मेळन चलोवन लोका मदें बरें मन वाडोंवक तो प्रयत्न करता . सामुहीक काजरां द्वारी लोकाचो दूडु उरेयता . शिकपा खातीर विवीद व्यवस्था करून ताणें लोकाक बरें शिकाप लाभचे बरी केल्या।

कार्कळांतली संत लॉरन्साची इगर्ज:



उडुपी जिल्यांत आसच्या कार्कळच्या अत्तूरांतली संत लॉरेंसाची इगर्ज एक व्हड पवीत्र यात्रीक केंद्र. संत लॉरेंसाच्या बरे गुणाक लागून रोमांतल्या पाप सायबान ताका प्रधान सेवक जावन नेमलो । सन २६० इस्वेंत ताका रोमाच्या चक्रवर्तीन उज्यार लासून माडतीर मारलो .

१८३० इसवे वेळीं कार्कळांतली इगर्ज पोरती जाली म्हणून थंयचो लोक आपल्या गोंयकार पाद्रि सवें ,

संत लारेंसाची इमाज घेवन नवी इगर्ज बांदूक जागो सोदून भायर सरल्ले .

पयण मुखारसुचाक पळेताना सकयल दवरलेली इमाज हालना जाली . निमाणें पाद्रीन आनी लोकान "तुजी खुशी तर संत लॉरेंसा तुका हांगाच इगर्ज बांदतांव" म्हळेंच इमाज हाल्ली ।

१८३९ इस्वेत थंयसर इगर्ज उबी जाली मात्र न्हय संत लॉरेंसान हजारों लोकाक ताच्या आजापानि आधार दिलो .

जनेर म्हयनाच्या निमाणे मंगळार थावन बिरेस्तार पर्यंत कार्कळचें व्हडलें फेस्त दबाजान चलता । वरसाच्या हरेक बिरेस्तार नवेनां चलतात . भोंवरी प्राकृतीक सोभाय कार्कळ पुनशेताक ताचीच ग्रेस्तकाय दिता .

हजार खांब्यांची बसती – मूडबिदरे



मंगळूर थावन सुमार ३७ कि.मी पयस आसा जैनाचें काशी म्हण नांवाडललें – मूडबिदरे संखो १७ हे गांवांची विशेशता. १७ बसती, १८ देवळां १८ तळीं हांगासर असात. हे सर्वा मदें तिलक जावन , सोबता इजार खांब्यांची बसती.

हजार खांब्याचे बसतीचो वावर तीन हंतांनी जालों. पयल्या हंतान बसतीचें प्रधान बांदप उबारलें । हांतू चंद्रस्वामी देवाची मूर्त प्रतीस्ठापीत केल्या. दूसर्या हंतार हे बसतीचो दूसरो प्रधान भाग भैरादेवी मंटप . हे बसदिचो तीसरो प्रधान भाग मानस्थंभ हाचो वावर जैनाचो अधिपती राय भैरवाची पतीण नागलादेवीच्या इत्सा परमाणें आरंभ केलो. प्रधान बांदपाचे वणतीचेर आसच्या शासनानी हाजो विवर मळता .

मुख्य द्वार थावन आरंभ केल्यार सगळी बसती सात प्रमुख विभागानीं आसात 1. मानस्थंभ (५० फीट उबार) 2. भैरादेवी मंटप 3) गद्दिगे 4) नमस्कार मंटप 5) तीर्थंकर मंटप 6) लक्ष्मी मंटप 7) गर्भगृह .

हे बसतीचे सकयले माळियेर प्रधान बांदप, भैरादेवी मंटप आनी मानस्थंभ. पयले माळियेर तीर्थंकर पार्श्वनाथ आनी सुपारश्र्व हांचे मूर्ती आसात . तशेंच २४ तीर्थंकरांक हे माळियेच्या फळियांचेर कांतयला. हे बसतीचो खंयचोय एक खांबो आन्येक खांब्या वरी नासताना हरेक विशीश्ट तांब्याचो पाळी उपेग केल्यात .

उळळालची दर्गा:



६४१ इस्वेंत उगतावण जालेली उळळालच्यो ही जुमामसीद. १५९२ इस्वेंत मदीना थावन खुतुबुझमान अस्सइद महम्मद शरीफुल मदनी हंगासर येवन राबलो . हांगासर जियोन तो सणीक विशेवाक गेलो . हाजी समादी आसची दर्गा शरीफ, प्रस्तूत केंद्रीय जुम्मा मसदीचे बाजूंत आसा .हि दर्गा देश विदेश थावन हजारों यात्रिकांक आपणां थंय आकर्शिता । विवीद पिडेनी तशेंं संकश्टानी कश्टोंवंचो लोक हांगासर येता . हे दर्गाची भेट करून बरेंपण जोडून वतात .

उळळाल सइद दर्गांत आदी थावन उरूस चलून आयला . पयले हरेक वर्सा, उप्रांत दोन वर्साक एक पावटी त्या उप्रांत तीन वर्सांक एक पावटी चलतालो . १९२० इसवे थावन आता पांच वर्साक एक पावटी उरूस चल्ता .

– रिच्चर्ड आल्वारिस

अ) **रिच्चर्ड आल्वारिसः–** वृत्तेंत शिक्षक जावन आसच्या रिच्चर्ड आल्वारिसान पत्रांनी वैचारीक आनी मौल्याधारीत लेखनां बरयल्यां .

आशय : भारत साबार धर्माचो देश आसून विवीध धर्माची (आसलीं) श्रद्धा थळां लोकाक आकर्शीत करतात . हे वरवी धार्मीक सौहार्दता निर्माण जाता .

अभ्यास

I. शब्दांचो अर्थः

शेकडांत = शतमानांत;
ओड = आशा, अत्रेग;
यात्रीक = यात्रा करपी;
नवेना = नव दीस चलची मागण्या रीत
बसती = जैनांचें धार्मीक केंद्र;
इत्सा = इच्छा
समाधी = निकेपाचो जागो
निर्माण = रचन ; पणत्यो = दिवे;
पर्गटणी = प्रकटण;
उपकार = कृतज्ञता;
कार्यक्षेत्र = वावरा थळ;

II. विरूधार्थ बरय

पोरनो x	विश्वास x
ग्रेस्तकाय x	कश्ट x
बरें x	ग्रेस्त x
निमाणें x	समाधान x
ल्हान x	उज्वाड x
ऊट x	व्हडलें x

III. बहुवचन रूप बरय

तळें		बांदप	
देवळ		फेस्त	
खांबो		इगर्ज	
पणती		थळ	

IV. रिती सुवात भर्ती कर:

1. _____ म्हण नांवाडलेलें – मूडबिदरे .
2. उळ्ळाल दर्गांत आदी थावन _____ चलून आयला .
3. धार्मीक थळांक तांचोच _____ आसा .
4. भोंवती _____ सोभाय पून शेताक ग्रेस्तकाय दिता .
5. देवूळाक _____ पेटोवन उज्वाड करतात .
6. तुका हांगाच इगर्ज बांद्तांव म्हळ्ळेंच _____ हाल्ली ।

V. एक वाक्यान जाप बरय:

1. हजार खांब्यांची बसती खंयसर पळोंवक मेळता?

2. सगळी बसती कितल्या प्रमूख भागानी आसा? ते भाग खंयचे?

3. १५९२ इसवेंत मदीना थावन उळ्ळालाक येवन वस्ती केल्ली कोणें?

4. प्रस्तूत कितल्या वर्साक एक पावटीं उळ्ळालांत उरूस चलता?

5. धार्मीक थळां थावन मनश्याक कितें फायदो जाता?

6. संत लॉरेंसाची पूनशेत खंयसर आसा?

7. कार्तिक दीपोत्सवाचे विशेश आकर्शण कितें?


VI. **विवरून जाप बरय:**

1. हजार खांब्यांचे बसतीचो तीन हंताचो वावर विसकळून बरयात ।
2. कार्कळ संत लॉरेंसाची इगर्ज कशी स्थापीत जाली?
3. धर्मस्थळाच्या मंजुनाथेश्वर देवूळाचो वार्शीक महोत्सव विसकळान बरयात .
5. उळ्ळालच्या दर्गा विशीं पांच वाक्यानी विवर दी ।

VII. **हे शब्दां थावन नामपद आनी सर्वनामपद विंगड करून बरय:**

तें, केरळ; उरूस, तशें, तांचो, देवळ, जिल्लो, ताणीं हजार, उदाक हाच्या, उडुपी, ह्या

VIII. **दक्षिण, उत्तर, पूर्व, पश्चिम हे दिशा गुर्तकर**



IX. **दाकल्या प्रकार बरय :** बांद – बांदप

बरय		वांट	
न्हेस		मेज	
शींद		रांद	
शीक			

X. **तुमच्या गांवच्या धार्मीक उत्सव व जात्रा विशीं तुजा इश्टाक एक पत्र बरय.**

XI. **खंयच्याय धार्मीक उत्सव विशीं पत्रांनी आयल्ली वरदी कोंकणी भाशेंत भाशांतर कर .**

XII. **पंगडांत हर धार्मीक फेस्तांची सुरवात, रीत–रिवाज, हे सगळे चर्चा करून विशय संग्रह करात .**

पाठ – 8
गद्य

जनपद काणियों



एक भाशेच्या जनपद साहित्यांत आसच्यो काणियों म्हालगड्यांनी नेंट्या बाळांक मोव उत्रांनी आनी मधूर स्वरानीं ह्यो काणियों सांगताना भुरगीं कान–दोळें सोडून आयकतात . ही काणियों तांका नैतीक मौल्य आनी कल्पनेच्या सागोरांत व्हरतात . गांवांत राती वेळार तरनटे म्हातर्यां ओट्टू जमून जनपद काणियेच्यां पदां म्हणतात . ह्या काणियां आनी पदांतू दरीत रायाची कथा, नारिची कथा, पात्तोळी रुकाची काणी, कुंडेकुरुकुळ काणी, अभींगा कुंवराची चरित्रा, गौडाची काणी, अशें साबार कथा मेळतात . हांतू दक्षिण कन्नडांत चडावत मेळच्या अभींगा कुंवराची काणी पळोव्या .

गोंयां श्शेरा माजरी
कदमां रायाली धूव सुंदरी
अभिंगा रायाचो पूत तिचे
लागी काजार (लग्न) जायजे म्हणूनी
कदमांले रावळांक तुमी सोयरीक वच्चे
म्हणू तेग राय सुंदर म्हाळांक धाडता .

आंगणांत परकी तरनाटे आयील्ले पळोवन धूव बापय लागीं विचार करी. सोयरिके म्हाले म्हण आयकून रागान :

नांक कातरी पयल्यांचे नांक कातरी

कान कातरी दुस–यांचो कान कातरी

ओंट कातरी तिसरचे ओंट कातरी.

सलवाले म्हाले निरास जावून अभींगा कुंवरा सरशीं पाटीं परतलें बेजारायेन कुंवर शिकारेक भायर सरलो. आखरेक मधें रानांत, सुकण्या पाटल्यान धांव मारताना अवचित सुकण्यान घूट सांगलो.

एका मोणाची एक तुवें किंद्री घडीजे

किंद्री घडिजेगा तुवें रावळाक वच्चें

किंद्रीचो नाद तुवें परतीजेवो परतीजे .

सुकण्याचें उतर अयकून कुंवर रावळेरा भायर रावून किंद्री वाजयता. कुंवरन नादाक पिसवल्या ।

दोन मुडे तांदूळ ताका दान करयागों

मुटीन मुटीन व्हरा दान करयागो,

गळ्यार हार म्हजो ताका दान करयागों ।

हें अयकून, कुंवर सांगता. मुडे तांदूळ भायर उडोवन तुजे व्हरा पांयान डांकीन आनी गळ्याचो हार हातान डांकीन म्हणता । रागान कुंवरन ह्या भोगी सन्नेश्याक धांवडयता . कुंवर बेजारायेन आपले भयणीगेर चमकला .

कदंमालें नारीन म्हजे लागीं पोंत घालागों

तेगां जणां म्हल्यांक म्हज्या उणां केल्यांतगो

लोटून डांकून घालें म्हाका नगरां भायर,

चेडवाचो सांगात म्हाका दी म्हजे भयणी .

तेन्ना, भयण ताका एक उपाय सांगता,

कापड नेसयता, पेंकटाक कापड नेसयता

चोळी घालिता हरद्याक चोळी घालिता .

नाम तिळो करिता तें कपाली वयर

नाम तिळो करिता तें कपालीं वयर .

चल्ली सांगडो सुंगरार तुका मेळळेमू भावा

भिंतरले वाटेन वचून तूं मार्गार मेळरे

फुल्लां व्हरच्या मालोणिगेर बिडार करे .

वावाळिविणेर तूं फुलां बांध .

भयणीन सांगल्ले बरीं भाव परत चलियेच्या वेसार रावळेरा सरशीं वतां थंय एक म्हातारे कडेन कुंवरान धाडन दिल्लीं फुलां पळोवन कुवरन पिस्वत . इतलीं बरीं फुल्लां बांधल्लें म्हातरेचे नातीक (अभींग पुताक) पळोंवक आशेता . चलियेच्या वेसार युवक रावळेराक वता . वरत्या सरबारायेन कदमांली चली ताका पळयता . हात कितें इतले घट म्हण विचारताना कुंवर, घाटांत तीळ बुडून म्हण जाप दिता . आनी कुवरन काणियो सांग म्हणता. मागीर काणी सांगत दोगांय सांगाता रात फालें करतात । आपले धूवे लागीं परकी चलो आसल्लो म्हण कदमां राय रागान पिसो जाता . दुसरी वाट नास्ताना अभीगां कुंवराची कदमांलें चलियेचें लग्न जाता .

–सिरील माडता.

(हें कोंकणी जनपद काणियां विशयांतलें विवरण सिरील माडतान बरयिल्या .

"कोंकणी दायज आदीं आतां" म्हळ्या लेखनांतले घेतला. हें लेखन "राकणो" पत्रान परगटल्या अमर कोंकणी म्हणच्या विशेश अंक्यांत परगटला .

अभ्यास

I. शब्दांचो अर्थ:

जनपद = जण, लोक
रावळेर = रायाचें घर
थाप = आवाज
वळके = उदाहरण, देक
तपाक = मागणे, तपस
नगरा = शहर
सोंपया = सादया, सरळ
मोण = 14 किल्यांचे एक तुकाचें प्रमाण
सुग्गे = बाताचें दसरें बेळें
किंद्री = किन्नरी
जमोवन = सांगता घेवन
सागोर = दरयो
सुंगरार = अलंकार
म्हाले = दलाली
दंडाक = वेसार रुपांत

II. बहुवचन रुप बरय

1. काणी –
2. म्हातरो –
3. मुडो –
4. तर्नाटो –

III. अन्य लिंग रूप बरय

तें –
राय
कुंवर –
सुंदरी
नारी –
तरनाटो

IV. एका वाक्यान जाप बरय:

1. भुरगीं कान दोळें सोडून कितें आयकतात?

2. अभिंगा रायाची आशा कसली?

3. अभींगा रायाच्यी पुताची सैरीक कोण व्हरून गेले?

4. शिकारेक कोण भायर सरलो?

5. सुकण्याचों घूट कसलो?

6. कुंवर भयणागेर चमकुंक कारण कितें?

7. कोणागेर बिडार करूंक भयणी भावाक सांगलें?

8. कुंवर पिस्वोंक कारण कितें?

9. हात कितें इतले घट म्हळ्य कुंवरीनच्या सवालाक कपटी कुवरिनची जाप कसली?

10. कदमां राय रागान पिसो जावुंक कारण कितें?

11. "जनपद काणियों" बरण्यार कोण?

V. दोन – तीन वाक्यांनी बरय:

1. कदमां रायाले धूवे कडेन काजार जावका म्हण अभींगा रायाच्या कुंवर कितें उपाय केलो?
2. तेग जण सैरीक म्हाल्यांक कदमां रायालें धुवेन कशी बूद शिकयली?
3. सुकण्यान कुवरांक कसलो घूट सांगलो?

VI. धा – वाक्यांनी जाप बरय:

1. कदमां रायाचे धुवे कडेन अभिंगा रायाच्या कुवरांचे काजार कशें जाले?

VII. दिल्ले शब्द वपरून वाक्य कर:–

1. बेजाराय
2. सरबाराय

VIII. वावर

1. तुका कळीत आसल्ली एक जनपद काणी १५ वाक्यांनी सोंपया उत्रांनी बरय .

IX. देखी प्रकार रिती सुवात भर:

हावें खेलें	हांव खाता	हांव खातलों
हांव नाचलो		
	हांव हास्ता	
		हांव हाडतलों
दिलें		

X. वाक्य सारकें कर

1. ती म्हातारी भितर आयलो.

2. आमचो अब पेंटेक गेली.

3. फाल्यां हांव तुका आंबो दिलो .

4. पोरवां तूं आमच्या घरा आयिल्लो.

5. आमकां फाल्यां इस्कोल आसल्लें .

6. कुंवंर रावळेरा भायर आयल्ली.

7. थंय एक बोकरो आसल्लें .

8. आमका गावांत तोटां आसा

9. फेस्ताक आमचो मावळो आयली

10. आबान आंबे हाडलों

XI. तुका कळीत आसची एक जनपद काणी **10** वाक्यान मिक्वनांशें बरय .

XII. जनपद गितांची संग्रह करुन गांवूक अभ्यास कर .

XIII. जनपद इतर काणियांचे संग्रह कर .

XIV. ही काणी नृत्य रुपक द्वारी पंगडांनी अभिनय करा.

XV. लेखकान बरयल्या कोंकणी दायज आदीं आता हें लेखन वाचूंक प्रयत्न कर .

पाठ – 9
पद्य

मोगा जात

L3K2I6



मागतां जोडून दोनय हात
मोग जावा एक जात

कुसुवळनू भेद भावाचो दोरो
सर्वांच्या एकत देव खरो
भांदिनातीले आड कसलयो मेरो
मनीस जावून जीण

हजार देवांक माट पडुंदी
मोग जावा एकत जात

ग्रेस्त दुबळो फरक नाका
सर्व जावों भांवड ऐकामेका
वाटूंन जियेव सुखा दुखांत
राक्षस गुणांक अवकास नाका

इश्टागत जावो जिणिये रीत
मोगा जावो एकत जात

मंदीर, मसजीद, इगर्जी कित्या
देव आसूं काळआनी
रावो ताच्या नावन्र जावचो हत्या
सगट जागो जावून उटाव्या

दुश्मनांक मारून लात
मोग जावो एकत जात

भोगचे समाधान मोग आनी मायपास
मोगा जातीचे नवे उपदेस
गडी आनी हातेरांन्चो कर नाश
सगळो संसरांत जावो एक देस

मोडुन सर्व वेगाळचाराचे काट
मोगा जावा एकच जात

–किशू बारकुर

- **कवी कृती परीचय**

  किशू बारकूर नांवान प्रख्यात जाले बारकुरांत जल्मलो । हांची कविता राकणे, उमाळो, काणीक, दिवो आदी वेवगळे पत्रार प्रकट जालात. २००२ तुशहांका कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडमी प्रश्स्ती मेळ्ळ्या . 'धाक्त्य देवाची भुर्गीं ह्या पुस्तका थावन ही कविता विंचल्या .

- **कवितेची झळक**

  हे कवितेंत कवी आपण्यांक वेवेगळे शक्तीचे संबध दवर्ण संबध देवा लागी आधार मागता

अभ्यास

I. शब्दांचो अर्थ

मेरो = गड, ओवयो; फरक = व्यत्यास
लूसिफेर = पाड, चिंतपचो, सैतानाचें मुखेली रित्या = खाली
उपदेश = बरी भूद संगची
हजार देवांक शडंदी माट = देवाच्या संकया विंशीं फिकीर नाका

II. विरोध अर्थचे शब्द बरय

1. मोग x	2. ग्रेस्त x
3. इश्टागत x	4. शांती x
5. समाधान x	6. नाका x

III. अन्य वचन रूप बरया

दोरो ____ मेर ____

जात ____ इगर्ज ____

हात ____

IV. एकामेक मेळया

1. कोसवळवोन	सुख दुखांत	
2. वांटून जियेव्व	जांवादी एक देस	
3. मनीस जियव	देव खरो	
4. सर्वांचोय एकच	भेद भावचो दोरो	
5. सगळो संसाराच	जावन हास्कुरो	

V. रिती सुवात भरा :

1. मागता ____ दोनई हात.
2. सर्वांचो ____ देव खरो.
3. ____ जियेव सुखदुखांत.
4. देव आसमू ____ रित्या

5. दुश्मनाक _____ लात.

6. _____ हातेरांचो करुन.

7. मोडून सर्व _____ काट.

8. _____ जावा एकच जात

VI. तिकटांतल्ये शब्द वापरून वाक्य पुरते कर .

(मंदीर, मसिद, इगसर्ज, देव)

1. हिंदू _____ वेतात.
2. क्रिस्तांव _____ मागतात.
3. मुस्लिंमानी मागणे करचो जागो _____
4. _____ सग्ळ्यान आसा.

VII. एक वाक्य जाप बरया

1. हें कवन किशो बारकुराचयो काव्यां घोसंतेतलें विंचला?

_____

2. जिणये रीत कशी आसजे?

_____

3. खांयचो फरक आमचें मधें आसूंक नज?

_____

4. दुश्मनाक आमी कितें करीजे?

_____

5. सगळो संसार एक जावका कितें करीजे म्हण कवी उलो दिता?

_____

6. मोगा जातीचे नवे उपदेस खंयचे?

VIII. हे शब्द वापरुन वाक्य रच

1. भेदभाव
2. ग्रेस्त दुबळो
3. इश्टगत
4. दुश्मन
5. भुगण्से

IX. हे कवितेंत प्रास पद भर्ति करा.

1. दोरो, खरो
2. मायपास, उपदेस
3. हात

X. कविता पूर्ती करा.

भोगाण्से समादान .....

.....

.....

..... जावची एक देश .

XI. देकी प्रकार बरया :

मोग | मोगाळ | समाधान

मायपास | राग | खालतेपण

XII. असले विरुद्ध अर्थचे सांगत येवचे सब्ध एकें वळेरत बरया .

सुखदुख, अपल्लोपेलो, थयंहांगा .